**REGIONAL NEWS 29 NOV 2025,7.25am**

**Ganesh 120**

गोकर्ण परतागली जीवोत्त्म मठाच्या स्थापनेच्या 550व्या वर्साच्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी प्रभु श्री राम हांच्या 77 फूट उंचायेच्या कांस्य पुतळ्याचें अनावरण केलें. तशेंच नव्या रामायण थीम पार्क गार्डनाचें उक्तावण आनी ह्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण विकसीत केल्ल्या भगवान रामाक समर्पीत केल्लें 10 हजार चौखण फूटांचें संग्रहालयचे उक्तावण केलें. ही संस्था लोकांक दिका दिवपाचें केंद्र म्हणून उदेल्या. फाटल्या 550 वर्सांत हे संस्थेक काळ आनी युगाचे जायते चक्रीवादळ पळयल्यात अशें तांणी सांगलें.लोकांच्या एकचारांत विकसीत भारताचो मार्ग आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणले .BYTE फुडल्या पिळग्यांक प्रेरणा दिवपी मुल्यां तिगोवन दवरपाचो बुन्याद फातर हि संस्था. हे संस्थेन फकत श्रद्धेचीच न्हय, तर मनीसपणाची आनी संस्कृतायेची राखण केल्या अशें मोदी हांणी सांगलें.

**इफफी NSD 230**

भारताच्या 56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचो समारोप काल जाल्या भव्य पुरस्कार सुवाळ्यान जालो, तातूंत चित्रपटसृष्टीतल्या प्रतिभेचो भोवमान जालो. ऍशले मेफेयर हानी दिग्दर्शीत केल्ल्या व्हिएतनामी फिल्म 'स्किन ऑफ युथ' ह्या चित्रपटाक उत्कृश्ट फिचर फिल्माचो प्रतिश्ठीत गोल्डन पीकक पुरस्कार फावो जालो. सिल्वर पीकॉक विभागांत 'गोंधल' ह्या मराठी फिल्मा खातीर संतोष दावखर हांका उत्कृश्ट दिग्दर्शकाचो पुरस्कार फावो जालो. स्पॅनिश फिल्म 'अ पोएट' खातीर उबेमार रिओस हाका उत्कृश्ट अभिनेता पुरस्कार फावो जालो, जाल्यार स्लोवेनियाच्या 'लिटल ट्रबल गर्ल्स' ह्या सिनेमांतल्या अभिनया खातीर झारा सोफीजा ओस्तानाक उत्कृश्ट अभिनेत्रीचो पुरस्कार फावो जालो. इराणी फिल्म निर्मातो हेसम फराहमंद आनी एस्टोनियाचो दिग्दर्शक टोनिस पिल हांकां एक दिग्दर्शकाच्या उत्कृश्ट पदार्पणाच्या फिचर फिल्माचो संयुक्तपणान पुरस्कार भेत्य्लो. करण सिंग त्यागीक केसरी चप्टर 2 खातीर भारतीय फिचर फिल्माचो उत्कृश्ट पदार्पण दिग्दर्शक फावो जालो.बेस्ट वेब सिरिज (ओटीटी) पुरस्कार बंदिश

डाकू सीझन 2क  दिलो. एक खाशेली गजाल म्हळ्यार भारतीय सिनेमांत 50 वर्सां पुराय केल्ल्या खातीर दिग्गज अभिनेतो रजनीकांत हांचो सत्कार केलो. "हो मान पुराय सिनेमा उद्देगाचो. शंबर फावटीं जल्मल्लो तरी म्हाका रजनीकांत म्हणून जल्म घेवपाक जाय, कारण म्हाका फिल्म आनी अभिनय आवडता अशे तानी आपले मनोगत उक्ताय्ले.मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी महोत्सवाच्या समारोप सुवाळ्यांत कार्यावळीत उलयतना सांगलें कि  फाटल्या कांय दिसांनी इफ्फीची ही आवृत्ती संवसारीक सहकार्यात  सृजनशील मन, कला आनी प्रतिभेचो उल्लेखनीय मेळाव्याचे संयोजन आसा. विचार आनी संस्कृतायेचो असामान्य संगम गोंयान पळयलो अशे तानी म्हणले . इफ्फी जागतिक सर्जनशील केंद्र म्हणून भारताचे स्थान मजबूत करता. कथाकथनात नावीन्य आणि परंपरा दोनुय  मनयता अशें फिल्म निर्मातो शेखर कपूर हांणी म्हणले.

**गणेश   50**

अडचणीच्या सुवातेवेले वीज मीटर काडून ते सोयीच्या सुवातेर हाडपाच्या नोटिसीक फकत 35 टक्के वीज गिरायकांनी प्रतिसाद दिला. नोटीशे प्रमाण स्थलांतरणाची मुजत काल  सोंपील्ल्यान आज  सावन कारवाय सुरू जातली, अशी म्हायती वीज खात्याचें अधीक्षक अभियंते मयूर हेदे हांणी दिली.

**DIP  30**

बोरी पूल दुरूस्ती  कामाखातीर आज  सकाळी 8.00 ते फाल्या  सकाळी 8.00 वरा मेरेन फोंडा वटेनच्यान आणि मडगांव वटेनच्यान अवजड वाहनां खातीर बंद आसतलो.

SPORTS ३०

बॅडमिंटनांत लखनौ शारांत जाल्ल्या सैयद मोदी आंतरराष्ट्रीय बॅडमिंटन सर्तीच्या सेमी फायनलींत भारतीय शटलर तनवी शर्मान  प्रवेश केलो.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २१ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला